**गणेश गांवकार हांकां आमदारकीचो सोपूत**

ता. 14 मार्च 2021

राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी आयज राजभवनार श्री. गणेश गांवकार हांकां आमदारकीचो सोपूत दिलो.

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत, राज्यसभा वांगडी श्री. विनय तेंडुळकर, मुख्य सचीव श्री. पुनीत कुमार गोयल, विधानसभा वेव्हार सचीव श्री. चोखाराम गर्ग, विधिमंडळ सचीव श्रीमती नम्रता उल्मन आनी अवर सचीव श्री. हर्कुलस नोरोन्हा ह्या वेळार उपस्थित आशिल्ले.

विधानसभेचेर नव्यान वेंचून आयिल्ल्या उमेदवारांक आमदारकीचो सोपूत दिवपाखातीर राज्यपालान फाल्या 15 मार्च 2022 दिसा सकाळी 11.30 वरांचेर विधानसभा अधिवेशन आपयलां आनी त्या खातीर राज्यपालान श्री. गणेश गांवकार हांची हंगामी सभापती म्हूण नेमणूक केल्या. राज्यपालांचे सचीव श्री. आर. मिहिर वर्धन हंणी नेमणूकीचो आदेश वाचलो.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/168

-

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji